**आयटीआय प्रशिक्षकांक कौशल्याचार्य पुरस्कार**

ता. 11 सप्टेंबर 2020

भारत सरकाराच्या कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय मंत्रालयान शिक्षक दिसानिमतान नवी दिल्लीत आयोजीत केल्ल्या डिजिटल कॉनक्लेव कार्यक्रमात उत्कृश्ट अभियांत्रिकी आनी बिनयांत्रिक प्रशिक्षण शिक्षकांचो कौशल्याचार्य 2020 पुरस्कार भेटोवन भोवमान केलो.

गोंय राज्यातल्या काकोडा हांगाच्या सरकारी आयटीआय चे प्रशिक्षक श्री. विवेक परिसनाथ नाईक हांचो (अभियांत्रिकी शाखा ) जाल्यार मडगांवच्या सरकारी आयटीआय च्यो प्रशिक्षक श्रीमती सपना व्ही. पै आंगले हांचो ( बिनअभियांत्रिकी शाखा ) केंद्रीय कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय मंत्र्याहस्तुकीं कौशल्याचार्य 2020 पुरस्कार भेटोवन भोवमान केलो.

श्री. विवेक परिसनाथ नाईक हांका अभियांत्रिकी विभागात राष्ट्रीय पांवड्याचेर दुसऱ्या जाल्यार श्रीमती सपना व्ही. पै आंगले हांका  बिनअभियांत्रिकी विभागात तीसऱ्या स्थानावयलो पुरस्कार फावो जालो.

गोंय सरकाराच्या कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयान पुरस्कार विजेत्यांचे अभिनंदन केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/455

-

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA